०४.०३.०२०२५        सकाळी ८.४० वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग

राष्ट्रीय खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज व्हिडियो परिशदेवरवीं अर्थसंकल्पा उपरांतच्या तीन वेबिनारांत वांटो घेतले. हे वेबिनार सूक्ष्म, लघु आनी मध्यम उद्देगाची वाड, उत्पादन, निर्यात आनी अणुऊर्जा मिशनांचें इंजिन, गुंतवणूक आनी वेवसाय करपाक सोंपेंपण हाडटले. वेबिनारांत सरकारी अधिकारी, उद्देग फुडारी, आनी वेपार तज्ञांक भारताच्या उद्देगीक, वेपार, आनी उर्जा रणनितीचेर विचार करपाक एक माची दितले. अर्थसंकल्पांतल्या परिवर्तनकारी उपायांची अंमलबजावणी सुनिश्चीत करून धोरणाची अंमलबजावणी, गुंतवणूक सुलभताय, आनी तंत्रज्ञान आपणावपाचेर चर्चा करतले. खाजगी क्षेत्रांतले तज्ञ, उद्देग प्रतिनिधी, आनी विशय तज्ञ एकठांय यत्न करतले आनी अर्थसंकल्पीय घोशणांची प्रभावी अंमलबजावणी चालीक लायतले.
- फाटल्या दशकांत देशांतलो संशोधन आनी उदरगतीचो खर्च दुपेटीन वाडला, 2013-14 वर्सा साठ हजार कोटी परस चड आशिल्लो तो 1.27 लाख कोटी रुपया जाला अशें केंद्रीय मंत्री डॉ.जितेंद्र सिंग हाणी सांगलां. दिशा कार्यावळींवरवी देशाची गिन्यानाची अर्थवेवस्था मुखार सरतली आनी आत्मनिर्भर भारताक बळगें मेळटलें अशे काल नवी दिल्लींत जाल्ल्या दिशा कार्यावळींत उलयतना डॉ सिंग हांणी सांगलें. तशेंच तंत्रगिन्यानाच्या नवनिर्माण आनी वेवसायीकीकरणांत देशाक संवसारीक फुडारी म्हूण स्थापन करपा खातीर सरकाराच्या बहुविध रणनितीचेरय डॉ. सिंग हाणी भर दिलो. आर्टिफिशियल इंटेलिजन्स (एआय), बायोटेक्नॉलॉजी, आनी क्वांटम कंप्यूटिंग ह्या मळार नवनिर्माण देशाच्या अर्थीक फुडाराक आकार दितले अशें तांणी स्पश्ट केलें.
- विदेश वेव्हर मंत्रि डॉ. एस. जयशंकर आयज ब्रिटन आनी आयर्लंडाचा अधिकृत भेटेर आसतले. हे भेटी वेळार ते आपल्या समपदस्थ सचीव डेव्हिड

लॅमी हांचे कडेन चर्चा करतले आनी हेर  मानेस्तांक मेळटले. विदेश वेव्हर मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण भारत आनी ब्रिटन हांची एक व्यापक रणनिती भागीदारी आसा आनी संरक्षण, सुरक्षा, वेपार, अर्थवेवस्था, भलायकी, शिक्षण, लोकांमदले संबंद अशा विंगड विंगड वाठारांनी द्विपक्षीय संबंद घटमुट जाल्यात.आयर्लंडाचा दोन दिसांच्या भौंवडेंर मंत्रि जयशंकर आयरीश समपदस्थ सायमन हॅरिस आनी हेर मानेस्तांक मेळटले. तशेंच भारतीय समाजांतल्या वांगड्यांकय ते मेळटले. भारत आनी आयर्लंड हांचे मदीं वांटून घेतिल्ल्या लोकशाय मुल्यांचेर, संस्कृतीक संबंदांचेर आनी वाडत वचपी अर्थीक संबंदांचेर आदारिल्ले द्विपक्षीय संबंद आसात.

- भारतीय हवामान खात्यान आयज अस्तंत हिमालय वाठाराचेर पावस वा बर्फ पडपाचो अदमास उक्तायला. आयज जम्मू-काश्मीर-लद्दाख-गिलगित-बाल्तिस्तान-मुझफ्फराबाद आनी हिमाचल प्रदेशाचेर पावस वा गडगड आनी वीज पडपा सयत बर्फ पडपाची खूब शक्यताय आसा.
- कोंकण आनी गोंयांत ब्रेस्तारा मेरेन तशेच दर्यादेगेवेल्या कर्नाटकांत शुक्रारा मेरेन उश्ण आनी दमट हवामान आसतले.

- वेंचणूक आयोग आयज सावन नवी दिल्लींतल्या भारत अंतर्राष्ट्रीय लोकतंत्र तशेच वेंचणूक वेवस्थापन संस्थान म्हळ्यार India International Institute of Democracy and Election Management हाँगा सगल्या राज्यांच्या आनी केंद्रीय प्रदेशांच्या मुखेल वेंचणूक अधिकाऱ्यां वांगडा दोन दिसांची परिशद घडोवन हाडटलो. ज्ञानेश कुमार हाणी मुखेल वेंचणूक आयुक्त म्हणून पदभार सांबाळ्ळ्या उपरांत अशी ही पयलीच परिशद. दोन दिसांच्या ह्या परिशदेंत राज्य आनी केंद्र शासित प्रदेशातल्या वेंचणूक अधिकाऱ्यांक विचारमंथन करपाक आनी एकामेकांच्या अणभवांचे दिवप घेवप करपाक एक मंच मेळटलो. परिशदे वेळार आयटी आर्किटेक्चर, प्रभावी संवाद, सोशल मिडियाचो प्रसार वाडोवप आनी वेंचणूक प्रक्रियेंत वेगवेगळ्या कार्यकर्त्यांची कायदेशीर

भुमिका अशा आधुनीक वेंचणूक वेवस्थापनाच्या मुखेल विशयांचेर चर्चा जातली.

- नमो ॲप ओपन फोरमावरवी प्रेरणादायक जिवीत प्रवास सांगपाचो उलो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी केला. सोशल मिडिया पोस्टांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी म्हायती दिली की नमो ॲपाचेर शेअर केल्ल्या प्रेरणादायक प्रवासांतल्यान ह्या म्हयन्याच्या 8 तारखेक बायलां दिसा निमतान प्रधानमंत्रीच्या डिजिटल सोशल मिडिया खात्यांचो सोशल मिडिया टेकओव्हर करपा खातीर कांय बायलांची निवड जातली.
- भारत भेटेर आशिल्ली बेल्जियमची राजकन्या एस्ट्रिड आयज नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाँची भेट घेतली. ह्या म्हयन्याच्या 8 तारखे मेरेन ती भारता दौ-यार आसा. बेल्जियमाचे संरक्षण मंत्री थियो फ्रँकेन हांचे वांगडा राजकन्या एस्ट्रिड हांणी काल संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांची भेट घेतली. दोनूय देशां मदीं संरक्षण उद्देगीक सहकार्य वाडोवपाविशी चर्चा जाली. संरक्षण मळार बेल्जियमाच्या गुंतवणुकेक संरक्षण मंत्र्यानी येवकार दिलो. भारतांत आपली गुंतवणूक वाडोवन आनी भारतीय विक्रेत्यांक तांच्या पुरवण साखळींत आस्पावित करून बेल्जियम कंपनींक म्हत्वाची भुमिका करूं येता अशें तांणी सुचयलें.
- महाराष्ट्र विधीमंडळांतल्या पांच जाग्यांचेर जावपी पोटवेंचणुके खातीर वेंचणूक आयोगान वेंचणूक कार्यावळ जाहीर केल्या. राज्य विधानसभेंत वांगड्यांची वेंचणूक जाल्ल्यान ह्यो पांच सुवातो रित्यो जाल्यात. वेंचणुके खातीर अधिसुचोवणी ह्या म्हयन्याच्या 10 तारखेक जारी जातली, उमेदवारी दाखल करपाची निमाणी तारीक 17 मार्च आसतली. 27 मार्चाक मतदान जातलें आनी त्याच दिसा मतमेजणी जातली.
- जिनीव्हांतल्या मानवी हक्क मंडळांत संयुक्त राष्ट्र संघटनेचे मानवी हक्क मुखेली व्हॉल्कर तुर्क हांणी केल्लीं टिप्पणीं भारतान न्हयकारलीं. संयुक्त राश्ट्रांत भारताचे प्रतिनिधी अरिंदम बागची हांणी ही टिप्पणी निराधार अशें म्हणलें. भारत हो संवसारांतलो सगळ्यांत व्हडलो लोकशाय देश आसून

तातूंत विविधताय आशिल्लो समाज आसा हाचेर बागची हाणी भर दिलो. तुर्कान काश्मीर आनी मणिपूरचो उल्लेख केल्ल्याचेर आनी जम्मू-काश्मीराच्या बदलाक काश्मीराचो वापर केल्ल्याचेर टिका केली. जम्मू-काश्मीरांत चड प्रमाणांत मतदान, पर्यटनाची उदरगत हांचेर बागची हाणी भर दिलो. संयुक्त राष्ट्रांच्या हक्क कार्यालयान लक्ष दिवपाचो उलो मारला. तुर्काच्या उलोवपांत युक्रेन आनी गाझा सयत वेगवेगळ्या जागतीक संघर्शांचो आस्पाव आशिल्लो पूण पाकिस्तानाचो उल्लेख नशिल्लो.

- कॅनडियन आनी मेक्सिकन उत्पादनांचेर शुल्क थारायिल्ले प्रमाण चालीक लावपाक राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी पुष्टी दिल्या. मंगळारा कॅनडा आनी मेक्सिकोचेर 25 टक्के शुल्क सुरू जातलें अशें ट्रम्प हांणी काल व्हायट हाऊसांत पत्रकारां कडेन उलयतना सांगलें. वेपारी वाटाघाटीत मेक्सिको वा कॅनडा खातीर सुवात उरना अशें राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी पत्रकारां कडेन उलयतना सांगलें.चीनांतल्यान येवपी वस्तूंचेरूय 10 टक्के कर बेगीन सुरू जावपाची शक्यताय आसा.
- आयसीसी दादल्यांच्या क्रिकेट वस्तादपण खेळांत आयज दनपारां दुबयंत जावपी पयल्या उपांत्य फेरयेंत भारत ऑस्ट्रेलिये आड खेळटलो. भारतीय वेळाप्रमाण मॅच दनपारां 2.30 वरांचेर सुरू जावपाची आसा. गट पांवड्यावेल्यो तिनूय मॅची जिखून भारतान अ गटात पयलो क्रमांक मेळयलो. दुसरे वटेन फाल्यां लाहोरांत जावपी सर्तीच्या दुसऱ्या उपांत्य फेरयेंत न्यूझीलंड पंगड , गट बी जैतिवंत दक्षिण आफ्रिके आड खेळटलो. उपांत्य फेरयेंत जैतिवंत जावपी पंगड आयतारा निमण्या खेळात झुजतले.